# हस्तकला खात्याकडेन कारागिरांची फेरनोंदणी

ता. 31 मार्च 2017

हस्तकला, टॅक्सटायल आनी काथ्याकाम वेवसाय करपी वा हस्तकला खात्यामार्फत आयोजित कारागिर प्रशिक्षण पूर्ण केल्ल्या गोंय राज्यातल्या कारागिरांक राज्य आनी केंद्र सरकारच्या येवजणांचो लाव मेळोवन दिवपाखातीर हस्तकला खात्यान अशा कारागिराकडल्यान माहिती मागल्या.

अशा सगळयां कारागिरांनी हस्तकला, टेक्सटायल आनी काथ्याकाम खाते, हस्तकला प्रकल्प नेवगी नगर, पणजी हांगा संपर्क करून विहित नमुन्यातले अर्ज मेळोवचे आनी ते भरून 10 मे 2017 पयली सगळया दाखल्यासयत खात्याकडेन सुपूर्द करचे.

चड म्हायतीखातीर हस्तकला, टेक्सटायल आनी काथ्याकाम खाते, हस्तकला प्रकल्प नेवगी नगर, पणजी हांगा संपर्क करचो.